27th November 2026 8.40am

नमस्कार! आकाशवाणी पणजी केंद्राच्या प्रादेशिक खबरा विभागावरवी मनाली प्रभुगावकर तुमका राष्ट्रीय खबरो दिता.

मुखेल खबरो

- लोकसभेचे कामकाज, येता सोमारा आनी राज्यसभेचे कामकाज बुधवारा परतून सुरू जातले.

- भारत आयज नवी दिल्लींत, 25साव्या हिंद महासागर रिम असोसिएशच्या मंत्री परिषद बसकेची यजमानकी करतलो.

- नवी दिल्लीत 'भारत मंडपमात' सुरु आशिल्ल्या, ४५साव्या भारत आंतरराष्ट्रीय वेपार मेळाव्याचो आयज समारोप जातलो.

- गोंयात सुरु आशिल्ल्या, आंतरराष्ट्रीय चित्रपट महोत्सवाचो आयज आठवो दिस. चर्चासत्रां, चित्रपट निर्मात्यां मदीं संवाद आनी चित्रपट प्रदर्शन उत्सवात घालता भर.

- संवसारीक बुद्धिबळ वस्तादपण सर्तीत, भारताचो डी. गुकेश आनी उझबेकिस्तानचो जावो-खिर सिंदा-रोव्ह, हांच्यामदलो, सेगित तिसरो खेळ बादाबाद.

आता पुराय खबरो

लोकसभा राज्यसभा कामकाज – ११०

लोकसभेचे कामकाज, ३० नोव्हेंबर सावन परतून सुरू जातले, जाल्यार राज्यसभेचे कामकाज २ डिसेंबरसावन सुरू जातले. हेवरवी सरकाराची आवश्यक कामा पूराय करतले. कामकाजाच्या गरजेप्रमाण, दोनूंय सभाघरांचे कामकाज, ३ डिसेंबराक सोपतले. हे सत्रावेळार प्रस्नवर, शून्य वर आनी खासगी वांगड्याचे कामकाज, जावचे नात. १३ ऑगस्ट २०२६क अनिश्चित काळाखातीर स्थगित केल्ले, लोकसभेचे कामकाज आता सोमारा सकाळी ११ वरांचेर परतून सुरु करचे, अशें निर्देश लोकसभेचे अध्यक्ष ओम बिर्ला हांणी दिल्यात. तर १३ ऑगस्टाक अनिश्चित काळाखातीर स्थगित केल्ले राज्यसभेचे कामकाज, सभापती सी. पी. राधाकृष्णन हांच्या निर्देशाप्रमाण, बुधवारा सकाळी ११ वरांचेर परतून सुरू जातले. सरकारी कामकाज पूराय करपाखातीर दोनूंय सभाघरांचे अधिवेशन परतून आपोवचे, अशी विनवणी हेआदी, सरकारान लोकसभा अध्यक्ष आनी राज्यसभा सभापतींकडेन केल्ली.

IORA Meeting - 80

भारत आयज नवी दिल्लींत, 25साव्या इंडियन ओशन रिम असोसिएशन, (IORA) काउन्सिल ऑफ मिनिस्टर बसकेची यजमानकी करतलो. हेरां सयत विदेश वेव्हार मंत्री डॉ एस जयशंकर, सेशेल्सचो विदेश वेव्हार मंत्री बॅरी फौरे, मॉरिशसाचे विदेश वेव्हार मंत्री धनंजय राम-फुल आनी श्रीलंकेची

विदेश वेव्हार मंत्री विजिता हेरथ ह्या बसकेंत वांटो घेतले. भारताच्या IORA अध्यक्षपदाचो 2025 ते 2027 वर्सांचो विशय “हिंद म्हासागर प्रदेशांत नवनिर्माण, उक्तेपण, लवचीकपण आनी अनुकूलताय” हो आसा. 23 वांगडी राज्यांतले मंत्री आनी वरिश्ठ अधिकारी, 12 संवाद सत्रांनी वाटो घेतले.

IITF Delhi - 120

नवी दिल्लीत 'भारत मंडपमात' सुरु आशिल्ल्या ४५वो भारत आंतरराष्ट्रीय वेपार मेळावो - (IITF)चो आयज निमणो दिस. 'इंडिया ट्रेड प्रमोशन ऑर्गनायझेशन'वरवी दरवर्सा आयोजित जावपी, हो मेळावो भारतातल्या मुखेल भोव-उत्पादन वेपार प्रदर्शनांपेकी एक आसा. 'उदरगत आनी दायज’ ही हेवेर्साच्या मेळाव्याची संकल्पना आशिल्ली. काल जाल्ल्या पुरस्कार वितरण सुवाळ्यात, वाटेकार राज्यां आनी प्रदर्शकांनी सादर केल्ल्या बेसब-या प्रदर्शनांचो गौरव केलो. राज्या आनी केंद्रशासित प्रदेशांच्या श्रेणीत, तामिळनाडूक भांगरा पुरस्कार, केरळमाक रुप्या, मध्य प्रदेशाक कांश्यां पुरस्कार, तर त्रिपुराक खासा तोखणायेचो पुरस्कार दिलो. मंत्रालय आनी सरकारी विभागांच्या श्रेणीत, सूक्ष्म, लघु आनी मध्यम उद्देग मंत्रालयाक भांगरा पदक, रेल्वे मंत्रालयाक रुप्यां पदक आनी वस्त्रोद्देग मंत्रालयाक कांश्या पदक फांवो जाले. फाटल्या वर्सांच्या तुळेत हेवर्सा मेळाव्याक, भेट दिवपी संख्येत व्हड वाड जाली, अशें खबराकारांकडेन उलयताना ITPO चे अध्यक्ष जावेद अश्रफ हांणी सांगले.

Bal Vivah Mukta – 50

बायलां आनी भुरगीं उदरगत मंत्रालय आयज नवी दिल्लींत 'बाल विवाह मुक्त भारत' ह्या विषयाचेर, राष्ट्रीय पांवड्यावेली कार्यावळ घडोवन हाडटले. ‘संपूर्ण सरकार’ आनी ‘संपूर्ण समाज’ पद्धतीतल्यान, बालविवाह ना करपाच्या हेतान, 27 नोव्हेंबर 2024 दिसा सुरू जाल्ल्या ह्या राष्ट्रीय मोहिमेक दोन वर्सां पुराय जातली.

Agartala Polling - 50

अगरतला नगरपालिका आनी त्रिपुरांतल्या हेर 15 नगरपालिका तशेच शारी थळाव्या संस्थां खातीर, आयज सांजे 4 मेरेन मतदान जातलें. राज्यभरांतल्या 268 सुवातीं खातीर, 704 मतदान केंद्रांचेर मतदान जातलें. ईव्हीएम आनी हेर वेंचणुकेच्या साहित्या वांगडा, मतदान कर्मचारी खर सुरक्षा वेवस्थे खाला, आपापल्या मतदान केंद्रांचेर आसात.

IFFI Goa - 300

गोंयात सुरु आशिल्ल्या, 57व्या आंतरराष्ट्रीय चित्रपट महोत्सवाचो आयज आठवो दिस. पॅनल चर्चा, चित्रपट निर्मात्यां मदीं संवाद आनी चित्रपटाचे लायन-अप ह्या उत्सवात, आनीक भर

घालता. काल IFFIत चित्रपट उद्देगांतल्या दिग्गजांक श्रद्धांजली ओपली, तशेंच मास्टरक्लास आनी खाशेले चित्रपट प्रदर्शन घडोवन हाडले. महोत्सवाच्या कालच्या सत्रांत दिवंगत अभिनेते नाना पाटेकर हांच्या प्रशंसीत 'दीक्षा' फिल्माचें 'हॉमेज' विभागा खाला, खाशेलें प्रदर्शन करून तांच्या स्मृतिक आर्गा ओपली. IFFIत ICFT-UNESCO गांधी पदक जूरी वांगडी मनोज कदम आनी iffi कला दिग्दर्शक पंकज सक्सेना हांची पत्रकार परिशद जाली. ह्या संवादांत शांतताय, अहिंसा आनी आंतर संस्कृतीक समजूती वाडोवपाक, सिनेमाची भुमिका उजवाडाक आयली. प्रसार माध्यमां कडेन उलयतना मनोज कदम हांणी फिल्म निवड प्रक्रिया आव्हानात्मक , अशें म्हणलें. सर्ती खातीर धा चित्रपटांची निवड करचे पयलीं, एका वर्साक, सुमार दोन हजार चित्रपट पळयले, अशें सक्सेना हाणी सांगलें. वेगवेगळ्या समाजांतले चित्रपट, बदलपी समाजीक वास्तव प्रतिबिंबीत करतात, अशें ताणें सांगले. युनेस्कोच्या आदारान हो पुरस्कार, महात्मा गांधीजींच्या अहिंसा, सहिश्णुताय आनी शांतीचो आदर्श दाखोवपी, चित्रपटांक मान्यताय दिता. पणजेच्या कला अकादेमींत नामनेचे कास्टिंग दिग्दर्शक आनी फिल्म निर्माते मुकेश छाबरा हांणी 'द कास्टिंग मॅजिक: ऑडिशन्स अनप्लग्ड' ह्या विशयाचेर मास्टरक्लास घेतलो. 'कास्टिंग' ही सदांच विकसीत जावपी प्रक्रिया आसून दर एका चित्रपट आनी पटकथे प्रमाण कलाकारांची गरज बदलता, अशें छाब्रा हाणी नमूद केलें. निमाण्या खिणाक लेगीत भुमिके खातीर बरो अभिनेतो मेळ्ळो जाल्यार, आदीं वेंचून काडिल्लो अभिनेतो बदलता. अशे निर्णय सृजनशील प्रक्रियेचोच एक भाग आसून चित्रपटाच्या गरजे प्रमाण ते निर्णय घेवचे पडटात, अशें छाबरा हांणी स्पश्ट केलें. ह्या मास्टरक्लासातल्यान नवोदितांक एक म्हत्वाचो संदेश मेळलो - पडद्याचेर आशिल्ल्या दर एका अविस्मरणीय पात्रा फाटल्यान संशोधन, तयारी आनी सामुहीक यत्नाची एक कश्टाची प्रक्रिया आसता. आनी दर एका आकांक्षी कलाकाराचो हो प्रवास, लोकांक समजून घेवन, कलेचो आदर करून आनी योग्य भुमिकेची वाट पळोवपाचो धीर दवरून सुरू जाता. महोत्सवाचे आता फकत दोन दीस उरल्यात. संवसारभरांतले नामनेचे चित्रपट निर्माते, नवोदित प्रतिभा आनी सिनेमा मोगी हांकां एकठांय हाडपाचो हो महोत्सव, व्हडा दिमाखात चालूच आसा.

Rajnath Singh - 70

विकसीत राष्ट्र आनी जागतीक सत्ता म्हण, भारताची आकांक्षा घटमूट जावची म्हूण लवचीक आनी तंत्रीक नदरेन, प्रगत राश्ट्रीय सुरक्षा वेवस्थेक आदार दिवपाक जाय, अशें संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग हांणी सांगलें. राश्ट्राचें बळगें फकत ताच्या लश्करी क्षमतेक वा अर्थीक साधनसंपत्तीचेर न्हय, जाल्यार संस्थांच्या दर्ज्याचेर, फुडारपणाची नदर आनी बदलत्या संवसाराक अनुकूल जावपाची ताची तांक, हांचेरय आदारून आसता, अशें नवी दिल्लींतल्या नॅशनल डिफेन्स कॉलेजीच्या अभ्यासक्रम निरोप सुवाळ्यांत उलयतना संरक्षणमंत्र्यांनी सांगलें.

Chess - 80

जिनिव्हात सुरू आशिल्ल्या संवसारीक बुद्धिबळ वस्तादपण सर्तीत भारताचो डी. गुकेश आनी उझबेकिस्तानचो जावो-खिर सिंदा-रोव्ह हांच्यामदलो सेगित तिसरो खेळ बादाबाद जालो. गुकेश आनी सिंदारोव्ह हांणी सुरवे सावनूच बरो खेळ केलो. गुकेशान योग्य चाली खेळून, आपली स्थिती तिगोवन दवरली. ह्या १४ खेळांच्या चॅम्पियनशिप सर्तीत, आजून ११ खेळ जावपाचे आसात.

Cricket - 80

काल दोहात जाल्ल्या, आशिया कप रायजिंग स्टार क्रिकेट सर्तीच्या पयल्या उपांत्य फेरयेंत, श्री लंका अ पंगडान, भारत अ पंगडाक 8 गड्यांनी हारोवन फायनलींत प्रवेश केलो. भारतान पयली फलंदाजी करताना, 317 धांवड्यो केल्ल्यो. 318 धांवड्यांची मोख, भारतान श्रीलंका पंगडामुखार दवरील्ली. श्रीलंकेन ४१ पूज्य ३ शटकात दिल्ली मोख पूराय केली. श्रीलंकेच्या सिनेथ जयवर्दनेन शेकडो मारताना, 105 धांवड्यो केल्यो. आयज दुसरे उपांत्य फेरीयेंत, पाकिस्तान अ आनी बांगलादेश अ पंगडामदी खेळ जातलो. हो खेळ दनपारां 3:30 वरांचेर सुरु जातलो. निमणो खेळ आयतारा जातलो.

हवामान – 70

भारतीय हवामान खात्यान आयज दिल्ली, पंजाब, हरियाणा, चंडीगढ, हिमाचल प्रदेश, उत्तर प्रदेश आनी देशाच्या ईशान्य वाठारांचेर, दाट धुकें पडपाचो अदमास उक्तायला. फाल्यां मेरेन उदेंत राजस्थानात थंड ल्हारांचोय, अदमास आयएमडीन उक्तायला. केरळम, माहे, तमिळनाडू, पुडुचेरी आनी कराईकल हांगा आयज गडगड, वीज आनी वादळी वारें वांगडा, व्हडा प्रमाणात पावस पडपाची शक्यताय आसा, अशें हवामान खात्यान सांगलां. तशेंच फाल्यां मेरेन आंध्र प्रदेश आनी लक्षद्वीपार वीज आनी वादळी वारें वांगडा, गडगड मारपाची शक्यताय हवामान खात्यानं उक्तायल्या.

आता खबरो सोपोवच्या आदी, परतुन एक फावट आयच्यो मुखेल खबरो

- लोकसभेचे कामकाज, येता सोमारा आनी राज्यसभेचे कामकाज बुधवारा परतून सुरू जातले.

- भारत आयज नवी दिल्लींत, 25साव्या हिंद महासागर रिम असोसिएशच्या मंत्री परिषद बसकेची यजमानकी करतलो.

- नवी दिल्लीत 'भारत मंडपमात' सुरु आशिल्ल्या, ४५साव्या भारत आंतरराष्ट्रीय वेपार मेळाव्याचो आयज समारोप जातलो.

- गोंयात सुरु आशिल्ल्या, आंतरराष्ट्रीय चित्रपट महोत्सवाचो आयज आठवो दिस. चर्चासत्रां, चित्रपट निर्मात्यां मदीं संवाद आनी चित्रपट प्रदर्शन उत्सवात घालता भर.

- संवसारीक बुद्धिबळ वस्तादपण सर्तीत, भारताचो डी. गुकेश आनी उझबेकिस्तानचो जावो-खिर सिंदा-रोव्ह, हांच्यामदलो, सेगित तिसरो खेळ बादाबाद.

इतल्यान ह्यो राष्ट्रीय खबरो सोपल्यो. आकाशवाणी पणजी केंद्राच्या प्रादेशिक खबरा विभागाचे, मुखावेले राष्ट्रीय खबरापत्र तुमका आयकुपाक मेळटले, आयज सांजे ६ वरा जावन ३० मिनटांचेर. नमस्कार!